Panaji

प्रादेशिक खबरो

20.11.2025 @ 7.20 pm

- आयज सावन 28 नोव्हेंबर मेरेन हो आंतरराश्ट्रीय चित्रपट महोत्सव इफ्फी सुरु जालो.
- अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन आयोजीत केल्लें 26वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलन 22 आनी 23 नोव्हेंबराक  एर्नाकुलम हांगा जातलें
- राना हक्क दाव्यांचे अर्ज निकालात काडपी जिल्हा समितीन सत्तरी म्हालातल्या 149 अर्जांपयकी 80 अर्जांक मान्यताय दिली.
- टोकियोंत जाल्ल्या 25व्या समर डेफ्लिंपिकांत भारतीय रायफल शूटर महीत संधुन 50 मीटर प्रॉन स्पर्धेंत रुप्या पदक मेळयलां.

राष्ट्राची गौरवशाली चित्रपट संस्कृताय तशेंच जागतीक सिनेमा प्रेक्षकांक आनी सिनेमा मोगींक दाखोवपा खातीर आयज सावन 28 नोव्हेंबर मेरेन हो आंतरराश्ट्रीय चित्रपट महोत्सव इफ्फी सुरु जालो.आशियांतलो एक पोरनो आनी प्रतिश्ठीत चित्रपट महोत्सव म्हणून भारत आनी संवसारभरांतले चित्रपट निर्माते, कलाकार आनी चित्रपट मोगी एकठांय येतात.

कार्याव्लीत मानेसतानी आपापली सुवात घेतली.उक्तावण सुवाळयाक म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री एल.मुरुगन, मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, केंद्रीय वीज आनी नवीकरणीय उर्जेचे राज्यमंत्री श्रीपाद नायक, म्हायती आनी प्रसारण सचीव संजय जाजू, महोत्सव संचालक शेखर कपूर, कलाकार नंदकुमारी बालकृष्ण, अनुपम खेर, मनोज जोशी आनी श्रीलीला आनी फिल्म निर्मातो राकेश ओम प्रकाश मेहरा आशील्ले. ह्या कार्यावळींत वेगवेगळया राज्यांतले आनी चित्रपट उद्देगांतले रंगीत फ्लोट आसात.

हे वेळार उलय्ताना माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाचे सचिव संजय जाजू हाणी इफ्फीच्या उक्तावण परेडाचें वर्णन भारताच्या सिनेमाच्या विविधतायेची परब मनवपी कार्निवाल अशें केले

भारत आपल्या "ऑरेंज इकोनॉमी मोमेंटांत" आसा, इफ्फी महोत्सव दीसान दीसान खाशेलेपण हाडीत आसा,बरे सिनेमाचो सामग्री, सर्जनशीलता, संस्कृती माध्यमातल्यान भारतात बऱ्या दर्जाचे सिनेमा जातात अशें माहिती आणि प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन हाणी हे वेळार म्हणले

गोयचे मुखेल्मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आणि मानेस्ताक आणि हेर लोकाक येवकार दिलो. गोयांक सिनेमामळावेले production hub आनी creative capital करपाची मोख दवरला

अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणले उपरांत गोयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू उलयले. Iffi हो फकत महोत्सव न्ही जाल्यार हो महोत्सव म्हणल्यार सिनेमा विश्वातल्या मानेस्तांचे विचारांची ,संकल्पणेची आदान प्रदान करपाची माची अशे राज्यपाल पुसापती अशोक राजु हांणी म्हणला.तशेंच जागतीक मळार भारताची creativity दाखोवपी एक महत्वाची माची अशे ह्यावेळार राज्यपालान म्हणले .

हे वेळार भारतीय चित्रपटसृष्टीतल्या योगदानाबद्दल अभिनेते एन बालकृष्ण हांचो भौमान जालो. उपरांत जाल्या परेडांत 23 चित्ररथांनी वाटो घेतील्लो, तातूंत कार्निवाल आनी शिगमो दाखोवपी 11 गोंयचे चित्ररथ, आंध्र प्रदेश आनी हरियाणाचे सांस्कृतीक प्रदर्शन आनी एनएफडीसीची “50 वर्सां” श्रद्धांजली चित्ररथ आशील्ले. उक्तावणाच्या कार्यावळी उपरांत the blue drail हो ब्राझिलचो सिनेमा दाखयले. अंदूंच्या महोत्सवांत 81 देशांतले 270 वयर चित्रपट दाखयतले, तातूंत 13 संवसारीक प्रीमियर आसतले.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन आयोजीत केल्लें 26वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलन 22 आनी 23 नोव्हेंबराक ए. जे. हॉल, कल्लूर, एर्नाकुलम हांगा जातलें. भारताच्या विंगड विंगड वाठारांतल्यान सुमार 700 प्रतिनिधी ह्या साहित्य संमेलनांत वांटो घेवपाचे आसात. परिशदेचें उक्तावण 22 तारखेक सकाळीं 10 वरांचेर नामनेचे लेखक आनी सरस्वती सम्मान पुरस्कारान सन्मानीत प्रभा वर्मा करतले. संमेलनाचें अध्यक्षपद नामनेचे कोंकणी लेखक माधव बोरकर सांबाळटले. राजभाशा संचालनालयाचे उपसंचालक अनील सावंत मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर रावतले. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन उजवाडायिल्ल्या खबरेत ह्या संमेलनाच्या स्थळाक अशोक भोसले नगर अशें नांव दिलां अशें कळीत केला. कोंकणी साहित्यांत योगदान दिवपी हेर साहित्यीकांच्या वावराक मान दिवपा खातीर संमेलनाच्या माचयेक "अनंत भट मची" आनी दरवट्याक "अनंत नारायणन दरवटो" अशें नांव दिलां. पुस्तक प्रदर्शनाच्या स्थळाक सुशीला भट आनी शिवानंद शणै हांची नांवां दिल्यात. हाचे भायर पी.जी.कामत, मारियो मिरांडा आनी व्ही.जे. साल्ढाणा हांचे अंदुचे जल्मशताब्दी वर्स आशिल्ल्यान परिशदेन तयार केल्ल्या मानचिन्हाचेर तांची नांवां छापल्यात. 23 तारखेक दनपारां 3.30 वरांचेर जावपी समारोप सुवाळ्याक केरळ उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश नागरेश मुखेल सोयरे आसतले. सुप्रसिध्द कन्नड लेखक जयंत कैकिणी मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. दोन दिसांच्या परिशदेंत कोंकणी साहित्याच्या वेगवेगळया तासांचो आस्पाव आशिल्लीं स सत्रां जातली. परिशदेच्या कार्यावळीचो एक भाग म्हूण

गोंयच्या सुमार 300 प्रतिनिधींक कोचीच्या दायजाची आनी संस्कृतायेची वळख करून दिवपा खातीर ‘कोच्ची दर्शन’ नांवाची खाशेली भोंवडी भोंवडी घडोवन हाडल्या.

राना हक्क दाव्यांचे अर्ज निकालात काडपी जिल्हा समितीन सत्तरी म्हालातल्या 149 अर्जांपयकी 80 अर्जांक मान्यताय दिली. तरेकवार कारणा खातीर 69 अर्ज भायरायले अशी माहिती उत्तर गोंयचे जिल्हाधिकारी अंकीत यादव हांणी दिली.राना हक्क दाव्यांचे अर्ज निकालात काडपा खातीर जिल्हा समितीची आयज बसका जाली. माळोली, गोळावली, कोदाळ, देरोडे हांगच्या अर्जांचेर विचार जावन निर्णय जालो.माळोलीतले 40 अर्ज दावो करपी अर्जदारानीच फाटी घेतले. हाका लागून तांका मान्यताय मेळ्ळी ना. गोंय राना उदरगत म्हामंडळाच्या जाग्याचेर लागवड केल्ले 29 अर्ज आशिल्ले. हे अर्ज भायरायले, अशी म्हायती जिल्हाधिका ऱ्यांनी दिली.

खाशेल्या सघन पुनरावृत्ती म्हण्ल्यार SIR हे प्रक्रिये खाला सुरवाती सावन पुरायपणान नवी वेंचणूक वळेरी तयार करप ह्या मुखेल हेतान देशभरांतल्या एसआयआर प्रक्रियेची तारीख मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी जाहीर केली. ते खातीर पुराय देशभरा सयत गोयातूय BLO म्हण्ल्यार बूथ लेवेल अधिकारी घरा घरानी फिरून फोरमा वाटतात. हे विशी मतदारांनी गणनेचो फॉर्म सादर करचो आणि स्वच्छ, अद्ययावत आणि वेवस्थित मतदार वळेरी तयार करपाक मदत करची

राज्यात वाडट्या गुन्ह्यावाच्या फांटभुयेर प्रमोद सावंत हांणी गोंय पुलिशेच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका घेतली.आल्तीन्हो पणजी जाल्ल्या ह्या बसकेक पुलिस म्हासंचालक आनी पीलिस म्हानिरीक्षकासयत वरिश्ठ पुलीस अधिकारी हाजीर आशील्ले.. घरफोडी सारके गुन्यांव परतून जावचे न्हय हाची खात्री करून अशा गुन्ह्यावाआड कडक कारवाय,तशेच गुन्हो घडचो न्ही म्हण सुरक्षेचे उपाय येवजण्यो करचे असो आदेश मुखेलमंत्र्यान पुलीशेक दीला.

टोकियोंत जाल्ल्या 25व्या समर डेफ्लिंपिकांत भारतीय रायफल शूटर महीत संधुन 50 मीटर प्रॉन स्पर्धेंत रुप्या पदक मेळयलां. शूटिंगात भारताची पदक संख्या आतां 12 जाल्या,जातून महीतान तीन पदकांचे योगदान दिलां.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३४.७ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २२.८ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला